नील दोळ्यांची चेली

पी. एन. शिवानन्द शेणै



नील दोळ्यांची चेली

मोगाळ भेट
गोवा कोंकणी अकादेमी
213, पाटो कॉलनी,
पणजी, गोंय - 403001

पी.एन. शिवानन्द शेणै

पी जी कामत फ़ौंडेशन
एरणाकुळम
2014

(Konkani) (कोंकणी)

NEEL DOLYAANCHI CHELI **नीळ दोळ्यांची चेली**

Poems कविता

P.N. Sivanand Shenoy **पी. एन. शिवानन्द शेणै**

First Edition : November 2014 *पयली आवृत्ती* : नवेंबर २०१४

© Reserved सर्व हक्क स्वाधीन

Cover Illustration : *कवर चित्रण :*

Ibrahim Badusha इब्राहिम बादुशा

Published by : *प्रकाशक :*

P.G. Kamath Foundation पी जी कामत फ़ौंडेशन

Puduma पुदुमा,

Parinamam Road, Kaloor परिणामम रोड

Ernakulam, Kochi - 682 017 कलूर,

Tel : +91484 2530866 एरणाकुळम

Mob : 94477 30866 कोची - ६८२ ०१७ केरळ

email:pgkamat.foundation@gmail.com

www.pgkamathfoundation.com

Price : ₹ 100/- मोल : ₹ 100/-

Printed at : Amarakerala Industries मुद्रण : अमरकेरळा इंडस्ट्रीस

Kalabhavan Road कलाभवन रोड

Ernakulam 682 018 एरणाकुळम 682 018

हें पुस्तक गोवा कोंकणी अकादेमीचे 'साहित्य प्रभा' येवजणेखाला छापलां

नमनाचीं उतरां

केरळचे कोंकणी प्रवर्तकांत प्रमुख आशिल्लो आनी सगळे कोंकणी कवींगेल्या मदें संप्रीत आशिल्लो पी.एन. शिवानन्द शेणै आज आमचें मदें ना. तो सर्गेस्त पी.जी. कामत हांचो एक अभिमानी आनी मागीर पी.जी. कामत फ़ौंडेशनाचो एक हितैशी आशिल्लो.

गेले वर्सा तांणी एक कोंकणी कविता संग्रह उजवाडावंक प्रयत्न केलो आनी ताका प्रस्तावना बरोवंक ज्येश्ट कवी नागेश करमली हांचेकडे संपर्कूय केलो. पुण प्रस्तावना मुद्दम दिवूंक नागेश बाब मंगळूरांत घेवन पावले तेन्ना शिवानन्द शेणै अकस्मात अंतरलेली खबर आयकून तांकां अजाप आनी दुख जालें. आतां हें पुस्तक "साहित्य प्रभा" येवजणे खाला गोवा कोंकणी अकादेमीचो सहकार घेवन उजवाडाक येता आसा.

ह्या कविता संग्रहांत आखेर दिल्ली कविता "इश्टा" तांणी बरयिल्ली आखेरची कविता आसा. आनी ती मडगांवच्या कोंकणी भाशा मंडळाची "कोंकणी" नांवाच्या वर्सुकी अंक2013त छापून आयिल्ली. तिवय पळोवंक शिवानन्द बाबाक सुयोग ना जालो.

शिवानन्द शेणैच्या कवीमनाक प्रणाम करून ही नीळ दोळ्यांची चेली तुमच्या सम्मुखांत आमी सादर करतात.

- पी.जी. कामत फ़ौंडेशन

कवीची वळख

पी.एन. शिवानन्द शेणै जल्माक आयिल्लो कोट्टयमांत 1951 आगस्ट 30 तारीकेक. नरसिंह शेणै आनी लीलाबायि दंपतीलो धाकलो पूत. कळमश्शेरी सरकारी पोलिटेक्निकांत इंजिनियरिंग डिप्लोमा मेरेन शिकवण. मागीर कोची पोर्ट ट्रस्टांत 30 वर्सांचें काम.

"किरकिर' (1984) आनी 'चांगपणाची सांत' (1990) अश्यो दोन कवितासंग्रह तांणी कोंकणींत उजवाडयल्यात. मागीर 2012 त त्या दोनूय पुस्तकांतल्यो कविता एकठांय करून आपणाल्या पुस्तकांची दुसरी आवृत्ती काळ्ळी.

सुनापरांत दैनिकाच्या आयताराच्या संचिकेंत 1993 वर्सा 'म्हयन्याचो कवी' म्हणून तांची वळख जाल्ली आनी तांची 'गोमंतक १९९०' ह्या लांब कविता छापून आयली. ऋतु, कोंकण जनता, सारस्वतवाणी, दिवटी, कोंकण टायम्स, कोंकणी वर्सुकी, बिंब, जाग, पंचकादायि इत्यादि पस्त्रिकेंत तांच्यो कोंकणी कविता उजवाडाक आयल्यो. 'सान सान फूल' ह्या कथेक 1986-त बरें कोंकणी गद्य साहित्या खातीर केरळ कोंकणी अकादेमीचो 'पंडरीनाथ भुवनेंद्र पुरस्कार' फावो जालो. मंगळूरचे कविता ट्रस्टान 2011-त मथायस कुटुंबाचो कविता पुरस्कार तांकां भेटयलो.

केरळ कोंकणी अकादेमीचो अध्यक्ष, अखिल भारतीय कोंकणी साहित्य परीशादेचो उपाध्यक्ष, केंद्र साहित्य अकादेमीचे कोंकणी सल्लागार समिति सदस्य, कोंकणी साहित्य अकादमी केरळ हाचो पयलो वांगडी कार्यदर्शी - अशी वेगवेगळ्या जवाबदारीन तांणी कोंकणी चळवळींत वांटो घेतला. मलयाळम साहित्यांतुय तांचो वावर चल्ला. 'किच्चुविनु संभविच्चदु' आनी 'कर्तावि‍ल विश्वसिच्च स्त्री' अश्यो तांच्यो दोन कथासंग्रह उजवाडाक आयल्यो.

2013 नवेंबर 9 तारीकेक शिवानन्द शेणै संवसाराक सोडून गेलो.

कवी आनी कविता

कवितेचो प्रभाव तिजें पूर्णपणान म्होण आसा. सत्याक हें पूर्णपण कवितेक मात्र आसा. कवीक तें तशी करपाचें प्रयत्न मात्र आसा. कविता पुराय जाल्यार मागीर कवीक कविता वेगळी जाता. उपरांत कवीक कवितेकडे कांय बांधव ना. कविता कवीकडे थाकून स्वतंत्र जाता. कवितेचें हें स्वतंत्रपण तं कविचें सपन. ह्या सपनाचे खातीर तो जायतो प्रयत्न करता. कविता बरयता आनी परतून बरोवन चूकि ना करून तो कवितेचें पूर्णपण जोडता.

आवसूल्या गर्भांत बीज पावन वाडून चेरडूं जावन भायर पांवचेवरी कविता जल्मता. तावळ कविता आनी कवी दोन व्यक्ती जाता. ही प्रक्रिया सगट मनश्यालेंय मनांत जाता तरी मनांतलीं कविकल्पना कविता जावन वाडून येंवच्या फूडेच निसरून वता. निसरून वचूं नातिल्लें वाडून येता तरी मनीश कवी जाता. कवित्व एकच आसता जाल्यारीय मनीशपणाच्या खातीर कविता एकेकल्यांकय तागतागेली जाता. एकेकल्याली कविताय दुसर्याकडेसून विंगड जावन पावता.

वाल्मीकीक रामायण रामाली काणी म्होण दिसता. जाल्यार वाचकांक सीतेली, दशरथाली, लवकुशांली. तशीच समस्त पापाचेकडे आशीले मनीशपण तं रामायण. रामायणांत वाल्मीकी एक पात्र जावन आसा. कवीच कथापात्र जाता. कथापात्र आनी कविता दोनीय दोन आसतात. आवसूली कविता तं तिगेलें चेरडूं म्होण सांगल्यार तें चूकि जाता.

आवसूल्या गर्भपात्रांत बीज दुसरेकडे थाकून पावता. कवीक तशी न्हय. कवितेचें बीज तागेले जीवितांत आनी जीवप्रकृतींत

थाकून सोडून काडचें आनी ताका मेळचें. हें मेळप तागेलें जीवित न्हय. जीवित सगटांलेय तरी हें मेळप कवीक मात्र जांवचें. कवीन मात्र भोगूचो अनुभव आसा. तें जाणून न्हय नेणून जाता. मागीर तें वाडून कवीन भोगूचे अनुभव तागेले जीविताकडे वेगळेंच आसा.

तशी आठयल्यार कविता कवीन नेणताच जाता. कविता प्रकृतीच जाता. ती जीवप्रकृतींत जाता. जालेल्या उपरांत कवीक कविता वेगळीच जाता. कवितेचें व्यक्तित्व आनी कविचें व्यक्तित्व दोन आसता आनी स्वतंत्र उरता.

कवीक एकच एक आकार आसा, पुण ताका दोन जीवित आसता. कविता करतना एक, सादा जीविताकडे आनी एक. तीं दोनीय आलतां पेलतांत स्वतंत्र आसात. कवीलें स्वतंत्रपण प्रकृतींत आसलें. कवितेचें प्रयत्न सोंपता तेन्ना तो तागेले जीवनाकडे परतून वता. कवितेक आपले जीवन आनी कवीक तागेले जीवन आसता. एकेक आकारांत हें दोनीय येवचें आनी भोगूचें.

कवी आनी कविता जावन आवस आनी चेरडालो संबंध ना. कवी प्रकृतीचो भाग न्हय, प्रकृतीच आसा.

कवीक आनी कवितेक वेगवेगळे व्यक्तित्व आसा दिकून तांकां वेगळेच जीवित आनी व्यक्तिसंबंधान म्हायती आसा. रामायणाचें आनी वाल्मीकीचें जीवित दोनीय दोन आसतात. टागोरालें आनी 'जन गण मन' हाचें जीवित वेगळेंच. वाल्मीकीलें जीवित आतां चरित्रांत गेला. तें आतां काणी जाला. रामायणाचें चरित्र आतांय जीवंत आसा. वाल्मीकी ना, रामायण आसा. टागोर आतां चरित्रांत आसा. 'जन गण मन' आतांय जीवंत आसा. दिकून कवीक एक जीवित आसा, कवितेक दुसरें एक जीवित आसा.

कवीची वळख तागेली कविता. जाल्यार कवितेची वळख कवितेची वळखच. हांव आनी मेगेली कविता दोनींय दोन आसात. आमी दोनींय आतां प्रकृतींत आसात. आमकांय जीवित आसा. हांगा आमकां आलतां पेलतांत वळख ना. हांवे बरयलेले किरकिराची वळख आतां म्हजे कडे न्हय वाचकांकडे आसा.

- पी. एन. शिवानन्द शेणै

एका आत्ममग्न कवीचो आत्मस्वर

जेन्ना एक कवी काव्य सागरांत खोळ बूड मारून कवितेक जल्म दिता तेन्ना ती कविता केवळ शब्दांची खेळ जावन उरना; ती एक भोव उंचायेचो असो काव्यानुभव जावन राबता. कारण काव्यानुभवाबगर कविता ही कविता आसच ना. म्हजो स्वताचो तरी हो अणभव. कवितेंत जर काव्यात्म मुल्यां नासली "जायत व शुष्क शैलींत बरयिल्ल्या खंयच्याय एक गद्य परिच्छेदावरी तें जातलें. कवितेंत भाव-भावनाची ओलसाण, अलंकरण आनी विशेष म्हळ्यार नादमाधुर्य जर आयलें ना तर तिचो आस्वाद योग्य तरेन घेवंक जायना. कविता आनी गद्य हातूंतलें अंतर हांगाच दिसून येता. एका काळार कविता छंदबद्ध आसताली. ती गीताच्या रुपांत प्रगट जाताली. कविता म्हळ्यार ताका सुरार म्हणून दाखोवपाक मेळूंक जाय अशें मानताले. आयची आधुनिक कविता ह्या बंधनांतल्यान मुक्त जाल्या. ती छंदमुक्त जाल्या. हाचो अर्थ आयचे कवितेचो जल्म गीत रुपात वा गेयरुपांत जायना अशें न्हय. गीतरुपांत, छंदबांदणेतय ती आसूं येता. पूण ते खातीर, आशय-विशयांत ती चलून आयिल्ली परंपरा सांबाळना. तिचो स्वर, भाशा, शब्द आनी ताचो उपेग आधुनिक काव्यरुपाकडेन सांगात जोडून जाता. बाब पी.एन. शिवानन्द शणै हांच्यो कविता जेन्ना हांवें वाचल्यो तेन्ना अशाच तरेच्या विचारां म्हज्या मनांत गर्दी केली.

शिवानन्द बाब फाटलीं चार दसकांपरस अदीक काळसावन कविता बरयत आसात. ही **नीळ दोळ्यांची चेली** आमचेमुखार येवंचे पयलीं तांचे **किरकिर** आनी **चांगपणाची सांत** ह्यो दोन सुपुल्ले कविता

संग्रह प्रगट जाल्लेले आसात. फाटल्याच वर्सा हे दोनूय संग्रह एकाच पुस्तकरुपांत नव्यान प्रगटीत जाल्यात. ह्या संग्रहांतल्या कवितां पासून सुरू जाल्लो शिवानन्दबाबांलो काव्य प्रवास, एक विशिष्ट काव्यसूत्र घेवन आतांच्या संग्रहांतल्या कवितां मेरेन सातत्यान चालू आसा - तो गीतकार न्हय. तो मुक्तमनाचो हात धरून आपणाक तरातरांनी उक्तावपी कवी. ही उक्तावणी करतना तो आपणाक खंयच्याय एका पारंपारीक बंधनांत बांधून घेनातल्याचो अर्थ "आयलें तशें गायलें " असो मात न्हय हां! दर एके कवितेफाटल्यान तांची एक भूमिका आसता. हाची थोडीशी सुलूस तांच्या "हांव" हे कवितेंतल्या उतरांनी उक्ती जाता. ते म्हण्टा :

मळबार हांव नक्षत्र
उदकांत हांव मासळी
स्वप्नांत बावनातिल्लें फूल
कानार आयकूंक संगीत
जाल्यार
जिवितांत इंगाळो
काळोच शेळायलो इंगाळो

हो "हांव" वेगवेगळ्या तरांनी उक्ती जाता. हो "हांव" कोणाचीच पर्वा करिनातसलो अहंकारग्रस्त न्हय. हो "हांव" भोंवतणचो समाज, लोक, तांची सुखदुख्खां, आटेविटे, कठिणायो, आपणालो परिवार ह्या सगळ्यांचो वेध घेवपी निर्भर तसोच संवेदनशील असो आयच्या मनशांचो प्रतिनिधीक असो "हांव"! हो "हांव" शिवानन्द बाबाल्या काव्याचेर खूब शेक चलयता; अधिराज्यच करता अशें म्हणूयेत.

शेकी कवी म्हळ्यार कितें; तो जन्माक धावता ती कविता अशीच खंयच्या. तशी उडत-नाचत येना. ती कविता कविच्या काळजांतल्यान येता. आनी शिवानन्द बाब तर सगळे तरेचे उत्स्त्फुरतेचे उक्तावनय कवितेच्या माटवांत आपणालो जागो आडावन बशिल्लो एक आत्ममग्न कवी. ताजो म्हणून एक खाशेलो आत्मस्वर आसा. तो स्वर ते तरातरांनी ओळयतात खेळयतात. त्या स्वरांतल्यान कवितेन शब्दरूप घेतलें म्हण्टकीच ते परत नवो सूर लावपाखातीर आत्ममग्न जातात. ते एकाच सुरा भोंवणी घुंवत रावनात. ते नव्या नव्या अनुभूतींचो स्वीकार करीत वतात - आदलेपरस दुसरी वेगळी अशे तरेची अनुभूती. म्हणूनच तर शिवानन्दबाबांची कविता खंयच एक कोंडाळें कशें करून रावना. कविता शब्दरुपांत उतरली म्हण्टकीच ते अलिप्त रावन तिका नियाळतात हे खातीर अंतर्मनाक एक वेगळी अशी शिस्त लागता. शिवानन्दबाबां कडेन हो गुण आसा.

शिवानन्दबाबांली कविता विचारांची कुवाडी निर्माण करिना. कांय प्रश्न मात उबे करता. कांय चिंता-हुस्के ती उक्तायता. "बांद फुटल्यार कितें" हे प्रश्नार्थक कवितेंत प्रश्नूय आसा आनी चिंता-हुस्केय आसात. "एक बांद फुटल्यार कितें म्होण कळना" हो प्रश्न पडिल्लो आसतनाच ते "तर येयाय तुमी मेगल्या गांवांत" अशें आमंत्रण दीत म्हण्टात. हातूंत एके तरेचो विरोधाभास आसा. भंय आसा आनी ना; म्हणून ते दुसर्यांकय आपणाल्या गावांत आपयतात कित्याक ? ह्या प्रश्नाक मात जाप ना. हांगा सगळेंच कितें निर्जाप जावन रावता.

शिवानन्दबाबाल्या भावविश्वांत आजकाळच्या साबार समस्यांचें वास्तव सांगात घेवन चलता. म्हणून तर चिंता-हुस्के कवितेत येतात वतात.

पूण वास्तवाचें भान सुटना हे म्हत्त्वाचें. "हांव शुद्रु" हे कवितेंत कवीमन हे तरेन उक्तें जाता :

म्हजो देवूय शूद्रु
गोडसाणीचें खाण नाकाच ताका
तो खाता, हांवय खावचें
तो पेज पिता
सुकें शीत जेवता
मांस खाता
नुस्तें भाजून खाता
म्हजो देव शूद्रु
हांव शूद्रु

हे कवितेकडेन समाज भान आसा. सामाजीक जाणवीक तर आसाच आसा. वयलेवयर पळयतल्याक ही कविता म्हळ्यार समाजजिणाचेर केल्ली एक टिप्पणी कशी दिसूं येता. पूण तिचे खोलायेचो थाव घेतकीच तिच्यांतल्यान व्यक्त जाल्लो मनीसजीण, समाज जीण आनी वट्टच जीवनमुल्यांक - साक लावन पळोवपी जाग्रुत आनी पारंपारीक धारणाक छेद दिवपी कवीमन दिसूंक लागला.

शिवानन्दबाबांच्या ह्या कवितांनी दोन-तीन खूबच वेगळे तरेच्यो कविता आसात. एक मेलवीनावयली कविता, दुसरी "वत्सला किर्तनी" ही कविता आनी तिसरी "पी. जी. कामत माका गुरू" ही कविता. शिवानन्दबाबान मेलवीनाक अचूक बरया शब्दांनी चित्रायला-

मेलवीन हांसुनुच आसा
रात जावो, दीस जावो
हो हांसुनुच आसा
म्हाका कळता तो हांस
मेलवीन हांसुनच आसा
शांत समुद्राचो रान वाटारांतलो पावसाचो
तागेले मनांत उजाचो पर्वत निपून आसा

.....

एका कवीन, आपणाल्या समकालीन कवीक उतरांनी आपणाल्या काळजात जागी करून दिवप हें भोवच तोखणायेचें. कामत मामाविशीं शिवानन्दबाबांनी आदरभाव उक्तावप ही तर खर्यांनीच अप्रुपाची गजाल. जाणी कामतमामा म्हणकी उर्बा-उमेद आनी उत्साह जाण्टे पिरायेरुय प्रत्यक्ष पळयला तांकांच तातूंतले मर्म कळूंक शकता. पूण सगळ्यांत चड म्हज्या मनाचो घाव घेतलो तो शिवानन्दबाबन वत्सला किर्तनी हांचो उगडास जागयलो ते गजालीन. 18 जून ह्या गोंयच्या क्रांतीपथांतलें वत्सलाबाय म्हळ्यार एक धगधगपी उज्या ल्हार. गोंयांतल्या खंयच्याय कवीक आजवेर तिची याद जाली ना. पूण पयस परातन्त्र रावपी शिवानन्दबाबांक तिचो उगडास जालो आनी तोय कविते रुपान. खूब तोखेवपासरकी ही गजाल.

शिवानन्दबाबांलो काव्यप्रवास जे वाटेवयल्यान आनी जे तरेन चालू आसा ती तशी साधी, सोंपी आनी संवकळीची गजाल म्हणूं नजो. ते

खातीर अजूनय अदीक खोलायेंत देंवन थयंच्यान अदीक आनी अदीक उंचायेर वचपाची गरज आसा. शिवानन्दबाबांकडल्यान तसो प्रयत्न जायत उरूं इतलीच म्हजी इत्सा.

"मानसदीप" **नागेश करमली**

चिंबाल, गोंय

8-11-2013

नीळ दोळ्यांची चेली

1. सुफळ..... 17
2. मेलवीन..... 19
3. वत्सला किर्तनि..... 21
4. सावळी..... 23
5. रेशन..... 24
6. देवी..... 26
7. बांद फुटल्यार कितें..... 27
8. हांव..... 29
9. देवालो जल्म..... 34
10. चूकी..... 35
11. बाम्मूण..... 35
12. फातर..... 35
13. दुखित मम स्वप्न..... 36
14. भक्तीन..... 40
15. जय मंगळम..... 44
16. श्राद्ध..... 46
17. धूव..... 47
18. उरता जल्म..... 48
19. आवस..... 49
20. मनुश्यालो देव..... 50
21. पावस आषाढांत..... 51
22. हांव शूद्रु..... 53
23. सत्य..... 57
24. एकच घोसांतलीं फुलां..... 58
25. सान फूल..... 60
26. वाट..... 62
27. ताली..... 64

28. तुजे दोळे आनी वर्ण..... 65
29. दासु..... 66
30. खबर तरातरांचीं..... 67
31. अपुरबाय..... 73
32. एक कुडको सुर्याचो..... 75
33. सिंदरा भोगोंती..... 76
34. सत्कारु..... 77
35. अहल्या..... 79
36. नक्षत्र..... 82
37. नीळ दोळ्यांचे चेलीये..... 83
38. उपाशी सूर्य..... 86
39. बायल..... 87
40. एक चेली..... 90
41. आयची सांज..... 92
42. मृग जावंक पाणा..... 94
43. एक चेडू फूल विकताली..... 95
44. वोत आनी पावस..... 97
45. विंगड विंगड सपन..... 98
46. दळितलक्ष्मी..... 100
47. धर्मपत्नी..... 102
48. जीवु..... 103
49. विष्णुपद..... 104
50. कल्याणी..... 105
51. सूर्या तुगेले खातिर..... 108
52. धूव आनी हांव देव समेत..... 110
53. पी जी कामत माका गुरू..... 112
54. भारतकार..... 114
55. इश्टा..... 124

01. सुफळ

सगट फूल कमळ न्हय
सगट फूल गुलाब न्हय
सगट फूल मोगारें न्हय
सगट फूल आबोलें न्हय
सगट फूल तरातराचीं न्हय
सगट फूल फुलाचें वरी
मनुष्य सगट एकच तरी

सगट फूल तांबडें न्हय
सगट फूल हळतूवें न्हय
सगट फूल धवें न्हय
सगट फूल नीळ न्हय
सगट फूल तरातराचीं न्हय
सगट फूल फुलाचें वरी
मनुष्य सगट एकच तरी

सूर्यु भोंवता आसा
चंद्रु भोंवता आसा
भूमी भोंवता आसा, तरी
भूमीर मनुष्य भोंवता आसा

कोळे सगट फूल जायना

फूल सगट फळ जायना

फळ सगट पिकून येना

पिकिल्लीं फुलां सगट पूजेक काडूं ना

सुफल मात्र पूजेक काडतात

बाळा तुमी सुफळ जायाय

2. मेलवीन

मेलवीन हांसुनुच आसा
रात जावो, दीस जावो
हो हांसुनुच आसा
केदनाय तो हांसून आसा
पळयलेले वेळेर सगटय हांसून आसा

तो कवी
कवी सगटय दिकुचो
मनान्तु राकून दवोरचो
कविता मान्दुचो

तो कवी
हांवय कवी
हांसूचो न्हय, माका हांसूक जावची ना
जिविताचे त्रास फुटून वोचें सपन
ताटार जावच्या कोळ्स्यांत जीव
माका हांसूक जावची ना
माका जन्म ताळ्यारि खोंचलो कन्डो

मेलवीन हांसुनुच आसा
रात जावो दीस जावो

हो हांसुनुच आसा
माका कळता तो हांस
मेलवीन हांसुनुच आसा
शांत समुद्राचो रान वाटारांतलो पावसाचो
तागेले मनांत उजाचो पर्वत निपून आसा

तो कवी
उजाचो पर्वत फाय सुनामी जातलो
रान वाटारांतलो पावसाचो फाय सगट होळोवन व्हरतलो

मेलवीन हांसुनुच आसा
रात जावो दीस जावो
हो हांसुनुच आसा
केदनाय तो हांसून आसा

तो कवी
कवी सगटय दिकुचो
मनान्तु राकून दवोरचो
कविता मान्दुचो तो कवी...

3. वत्सला किर्तनि

18 जून 1983
स्वातंत्र्या खातिर झुजचो एक दीस

डॉ. लोह्या जैलांत गेलो
रस्ते सगट बंद जाले
एक चेलियेलो ताळो
उंचार उंचार राबलो!
पोलीसान तिकाय भीतर घेतली
एकिच एक चेली ती
झुजांत
उजाची काणी
सान प्रायेची चेली,
ल्हान चेली

जीणे पशी व्होड स्वतंत्र एक जल्मभूंय
म्होण मानताली
मागीर गोंय स्वतंत्र जालें

वत्सला किर्तनि,
तीजी काणी
हांवें आयकिलें ना कित्याक?

रगताची,

उजाची,

आपणाले पशी व्होड

आपणाले राज्य म्होण लेकूची

ती वाती

ती ज्वाला

उज्वल जल्माची

ती वत्सला किर्तनि

आमगेल्या कुलाची तं

4. सावळी

सावळी माय!
तूं मेगेले मुखारी भोंवता
तूं मेगेले मागल्यान रावता
हांव भोंवता
तूं म्हाका लागून येता
हांव पडता
तूं म्हजे लागी पडता
हांव पिता खाता जेंवता
तूं पुण उपाशी रावता
हांव तुका कितें दितां?
हांव तुका कितें करतां?
तूं कित्या म्हाका राकून
मेगेली राखणमाय जाता?
गेले जन्मांत हांव तुजी सावळी
आतां तूं म्हजी सावळी
दुसेरीय हांव तुजी सावळी...
अशी जन्मजन्मांत
आलतां - पेलतांत
आमी सावळी

5. रेशन

खंय की थाकून
एक चेरडालें
भुकेल्लें रण्णें
मेगेले कानार पडताच आसा.

रेशना खातीर क्यूवांत राबिल्लो हांव
वारें भितरचें गीमाक चडोवचे
ह्या दिसा आखेर
उपाशी पडचे इतूले की
चेरडूवांची चित्रां चित्रपट पुस्तकांत
निश्चल जाताच आसात.

रेशना खातीर क्यूवांत आसा हांव
भुकेन चेरडालें रण्णें
मागीरीय मेगेले कानार पडून
भितर वचून मनाक घाय घालताच आसा.

एक कालाकय दूद येवनातिल्लें स्तनाचो
पुरुष जल्मा शापान
हांव लजेवनु
सानूच जाता आसा.

रेशना खातीर क्यूवांत आसा हांव
क्यूवांतलो अंतीम व्यक्तिक लागेन
हांव समजता
तागेलें दुखय
फुटल्लें सपनय
भुकेल्लें पोटय
उबारलेलीं हाडय
भितर पावलेलीं दोळेय
सुकून गेल्लेली जीबय
तोण्डार थाकून देंवनु गेल्लेलें ऐश्वर्यय
माका समजता आसा.

6. देवी

तुपा दिवली सरी
देवी

तुपा वाती सरी
देवी

तूप सरल्यार
वाती सरल्यार
संतूची देवी

उजवाड ना जाल्यार
काळकाची

7. बांद फुटल्यार कितें

एक बांद फुटल्यार कितें
म्होण कळना?
तर येयाय तुमी मेगेल्या गांवांत.

शेंबर वर्सांचें बांद आसा
फातरांनी आनी चिकलानी बान्दिल्लें
भुयेन एक रळ्ळ्यार ती फुटतली
फुटल्यार कितें म्होण कळना
तर येयाय तुमी मेगेल्या गांवांत.

म्हांतारी बांद मरणार आसा
भुंयेन एक शिंकल्यार ती फुटतली
फुटल्यार कितें म्होण कळना
तर येयाय तुमी मेगेल्या गांवांत.

म्हांतारी बांद मरणार आसा
भुंयेन एक शिंकल्यार ती फुटतली
तावळ कितें जावुंक वता
म्होण कळना जाल्यार
येयाय मेगेल्या गांवांत

सुनामी सरी एक फावटी
भायर थाकून भितर तांय
उंचार थाकुन खालाक
उदाक होळून येतलें.

तांतु हांव, मेगेली बायल,
आवस-बापूस, चेर्डु-बाळ,
सांगाती, शाळा, देवळां,
जागे - सगटय होळून वतलें
आमी कोण उरचेच ना, उरचेच ना.
मोटें होळून समुद्रांत पावनु
समुद्रुच मरतलो.

आमी तीस लाख जनां,
आमची संतती सगटय
होळून वतले
काळें काळें मोगरें फुलतलें,
उबगून कुरवूंचे सगटय
होळून वतले.

एक बांद फुटल्यार कितें
म्होण कळना?
तर येयाय तुमी मेगेल्या गांवांत.

8. हांव

1

मळबारी हांव नक्षत्र
उदकांत हांव मासळी
स्वप्नांत बावनातिल्लें फूल
कानार आयकूंक संगीत
जाल्यार
जीवितांत इंगाळो
काळोच शेळयलो इंगाळो.

2

वाट घुसपून पावलेले कडे
परमळाची फुलां वाट
आसा फुलां
तुमी मेगेल्या मनांत
आसा फुलां
तुमी मेगेल्या आंगांत
आसा फुलां
तुमी मेगेल्या गीतांत
आसा फुलां
जाल्यार

तुमी कांटे जावनु
मेगेल्या वाटेर पडता आसात
वाटेर मुखार दवरचीं
एकेक पावलांतूय
कांटे जावनु तोपता आसात

3

बायले
भूमीलोकांत माका तूं
तुका हांव मात्रवे बायले
तुका तुगेले पूत
तुका तुगेली आवसु
तुका तुगेलो बापूस
तुका तुगेलें घर
तुका तुगेलें रीण सोणु
मेगेली जांवचाक
वेळ खंय आसा
ना बायले सुख माका जावनु थोडो वेळ
ना बायले
तुगेल्या तोण्डार माका जावनु थोडो हांस
क्षीणित जावनु तूं

मिजेकडे येताना
माका कळता तुगेली मनांतली हुनसाणी
फाय उदेंवचे सूर्या पसावत
तुका चांग समयार सपनां आसात
सपनांत
बामणाकडे
तागेले जीवन विकून हाडची
गोडसाणीची घाणी, न्हेसवण
संतोशान पळोवंक आसा.

4

घुसपून भूमीर पळ्ळेले
बोब
सर्वनाशाचें बीज
सगट कष्टाची कोडुवाणी
हें कांय न्हय हांव
आकारा वरी होड मेगेलें मन
आकाशा वरी विशाल मेगेलें मन
सूर्याची हुनसाणी
चंद्राली शेळवोत
हें कांय न्हय हांव

एक वाती
उजवाडाची वाती

5

दीसु मेजून
दिसाचो वेळ मेजून
जीवितपुस्ताकाचेर बरोवनु
हांव ह्या जन्माचें
नश्टस्वप्नाचें लेक बरोवनु
सरून सरता
आयुष माका

नाका ह्या
पावसु पोण तिम्बिल्या सांजवेळार
लागी माका भयणी
आवसु
आनी काळकांत
दोळे धांपून
भिजुड जाता हांव

6

आषाडांतलो मृत्यु
माका चोवनु हांसता

आषाडांतली रात
मेगेले मुखार सोंपता

काणी बाकी जाता
दिकीलें सपन सगटय
पोण वता

हातु ताटर जाता
हांव आतां माका नाकाच जाता

भुकेवनु बाकी जाता जीवित
रडून बाकी जाता जीवित
कालमापिनीर सूव
निश्चल जावनूय
बाकी जाता जीवित
जीवित सगट सरळ जाता
बाकी जाता दिकिल्ली आशा

9. देवालो जल्म

उशीणे दिलेले
ओरोव सगट
पेज करून पीवनु
सरता सरता तरी
परतून पीडा
कित्या देवा तूं दिता?

तावळि देव सांगता :
तुगेले पापान
तुका पीडा भोगूंक शापु
मेगेले पापान
तुका पीडा दिवूंक माका शापु
तुका मन दुकूंक शापु
साबाव देवा जल्म, लेकल्यारी
माका शापु सरी-
पेज पिंवचो देव - सरी
कष्ट भोगूचो देव - सरी
मेगेलो जल्मूय
भोगून सरता सरता तुमचें मादरीन
हांवय सांगतां -
नाका माका देवालो जल्म!

10. चूकी

काळकांतूय
दिकूची ती
चूकी

11. बाम्मूण

सीताक रामु
तिगेलो बाम्मूण
बायलांक रामु
तागतागेलो बाम्मूण

12. फातर

फातराचे
जन्मांतु तो
वाटेर पडता
परमांतुय पडता
थोगडे फातर
देवाचें बिंब जातात
फातराक दोनीय सम

13. दुखित मम स्वप्न

मन दुकता
मेगेले स्वप्नाक
कामनेत्री जावन येवनु
पसंद केलेले चेलियेक
खंचो की एक यात्रिकाक
राती निदेकूडांत सखी करूक
'पिंप' लोडजांत व्हरता
(एक दीस आशिल्ले त्या दीस आमगेलें मन
एक जावनु आशिल्लें)
आतां तिका आसुंनावे
माका आशिल्ली मनांतली दूकी?

आशाढांतलो पावसु -
"चरुपीरे चरुपीरे" पडता
मनांत स्मरण पांवता.
एक दीस आशिल्लो
त्या दीस मेगेले मनांत
इतें इतें मोह आशिल्ले
इतें इतें ताण आशिल्ले

ह्या दुर्घट वाटेन-
हांव ह्या पाताळांत पावलो.
काम करून
मोहालस्य पावल्यार दुडू
दुडु काणु घेवनु राबल्यार
मनाक, शरीराक मोहालस्य

माका दुडू दी
खांवचाक दी
मेगेल्या कामाक कूली दी
आयुध दी
जीवित दी
सुख दी
अशी हांवे सांगल्यार
तुमकां मन दुकता की?

एक विशेष दीस
खेळनु खेळनु विवश जावनु
बैसुचे वेळार

तूवें सांगलें
तुका भूक आसा म्हणु

तुका हांवें मेगेल्या घराकडे
रान्नी कूडांत थाकून खाण
फारनु काडून दिल्लें, तुवें खेल्लें
भूक वचून तूंवें हांशिल्लो
तो हांसुत हांस
तशीच एक हांसूक
तुका आतां जातले वे-

पयल्या चेरडाक खयिं नांव
घालका म्हणु आमी वाग्वाद केलें
चेलो जातलो वे
चेली जातली वे म्हणु
निमगीले हांवे
"चेलो जातलो,
तो बहु विक्रम जातलो"
सांगलें तूवें
(आतां तूं कडवांतलें मंचूव
आलतांत येता
पेलतांत वता
दुडू तुका होडु
दुडू तुका गोडु)

बेंकांत अकौंटांत

पांच रुपया आसा

वीख काणु घेवनु खावनु

मरचाक न्हय

पेस्काती काणु घेवनु तुका

जिवानशी मारचाक न्हय

स्वप्न - बाल्यकालाचें स्वप्न

तूं मेगेली सखी जावनु एक निमिश

तें स्वप्न....

होडु माका दुडू जडू

तो गोडु न्हय

14. भक्तीन

हांव शिवानन्द शेणै

तुमचेकडे कविता वाचूक राबला

तुमी माका आयकूंक बशिल्ले आसात

हांव तुमचेकडे कितें सांगपाक आसा?

मिजे पासून, तुमचे पासून, आमचें पासून

सांगपाक जायते जायते आसा

आयकात

हांवय तुमच्या मादरीन (वरीच) आसा

तुमच्या मादरीन रितें मनय घेवनु आसा

तुमगेले मादरीन मेगेल्या मनांतूय

कांय ना

तुमगेले मादरीन मेगेल्या मनांतूय

देव ना, गुरु ना

आवसु ना, बापूस ना

बांधव ना

साबाव रितें

फूट रितें

तुमगेले मादरीन मेगेले मनय फूट रितें

ना जांवचें सगट
रेशना आंगडींत मेळतना
ओरोव ना जाल्यार ओरोव,
साकर ना जाल्यार साकर,
तेल ना जाल्यार तेल,
तशी कितें कितें ना जाता
केन्ना केन्ना उणे जाता
तावळ तावळ राकून हाडतलो देव सरी
रेशना आंगडींत तं मेळता
आतां रेशना आंगडी ना
आसा जाल्यारीय थांगा कांय ना
आनी कितेंय आसात जाल्यारीय
थांगा मनुश्यपण ना;
थांगा तुकूच्या त्रासावरी
तुगेल्या मना मादरीन
सत्य ना
आसा तुगेल्या मादरीन
फटी, फटवण.
तुगेल्या मादरीन
मेगेले मनय फटवणेचें आसा
देवाक फारल्यारीय हांव चोरु जायना

देव हंसून आमकां
आशीर्वाद दिता
तेंवय फटवणच.

आमी देवाक राखल्यार
देव आमकां राखता
- हें आमकां कळता
तें देवाकय कळता,
तुमचें मादरीन
माकाय कळता
नागडोच राबिल्या देवाक
नागडीच राबिल्ली देवी :
तें चोवंचाक
लजेन म्हणु दिसुच्या मादरीन
एक दोळो सण्ण विसकळावका
देवीक आमी चोयाताय म्हणु
देवीक कळता
तें देवाकय कळता
तुमगेले वरी
मेगेले वरी
देवालें मनय रितें आसा.

अशी तशी हांव
मेगेली कविता
जीविताची कविता
सत्यपणाची कविता
सांगून सांगून राबता.
- देवा, सत्यनारायण देवा!
तूं माकाय मेगेले बायलेकय
चेरडु बाळांकय
बन्धु बान्धवांकय
गुरूकय देवाकय देवीकय राख!
राख बाप्पाक राख
राखून राखून मोग
- ह्या जन्माचें कष्ट नष्ट सगटय
मोग, मोगारें मोग

15. जय मंगळम

तीन मुष्टी सीत
आमगेले भूक सरची ना.
तीन चिपट उदकान
आमगेली जीब तिमचीना.

आधार जाय
बेंकांतु अकाउंट जाय
पैन नंबर जाय
एलेक्टोरल कार्ड जाय.
आनी उपाशी पडून
मळबावैले नक्षत्र मेजुन
जग निदेवुन
रितें सपन दिकुन
नष्ट यो जन्मु
आमी भोगुन काडूक जाय

स्वर्गारी आसा बापूसु
आनी आवसू लागी भाव भयणी
तांणी थांगा सुखान आसात खैं
जावो.... आमकांय वचात

पारिजाताचें फूल आसा
मोगाची तूं आसा
कानारी तुगेलो स्वासु आसा
बायले तूं आसा थंयच माका स्वर्गु

जय मंगळम
जयजय पत्नी समेत
हें जीवित मंगळम

16. श्राद्ध

श्राद्धाक पितरांक
खाण जेवण वाळ्ळें
तें सगट अग्नीन गिळ्ळें
दवरलेली वायसपडी
कायळ्यान खेली
परत
उबून वताना
कायळ्यान सांगलें :
"आनी आमी वर्स पुराय
उपाशी"

पितरांक कितें कळता?
साबाव येवनु धावनु
पोट भरून वचूका :
श्राद्धाक पितरांक
खाण जेवण
वाडून काडचें
कष्ट नष्ट :
तें घेत्तरी ना जांवचें
जेविताचें सौख्य!

17. धूव

धुवे
तूं
वीं
जन्मजन्माची बीं
धुवे
तुका मात्र जाता गर्भ
तूं मात्र जाता गुर्बीण
धुवे
तूं
देवी
देवाक जल्म दितली
- जाल्यार
तुका हांवें
खंय निपोवन दवरप?
तूं
जोडी
तूं
गोडी

18. उरता जन्म

बीं घेतलें
तें महावन जालें
थेंबे उदाक घेतलें
तें समुद्रु जालें
जन्म घेतलो
तें मेगेले जीवित जालें.

दामू आनी
घायु वाडताना
सरता सरता
फकत जन्म
देवान दिलोलो जन्म
ताळो सुकून
मरण पर्यंत
सरून वच्चो जन्म!
दोळ्यांत काळकाची सूव
तोपूचें पर्यंत
उष्टे जावचो जन्म

बीं बिकंडाचें
वाडून पणस जातात
उदाकाचो थेंबो
कपलावेलो बोरो ना करचें पर्यंत
उरताच उरता जन्म

19. आवस

हांव आसा आवसूवरी
बायलेवरि
धूवेवरि.

ना,
माका तशी दिसाना

मनांतली आवस मेगेली आवस न्हय
आवस अपुरबायेची
माका शीत दीवन निशें पिवची
हांव वाट घुपसून हांगा थांगा भोंवन
परतून पांवतना हांसून राबून दारवटो काडतली
आनी निपून रडतली

20. मनुश्यालो देव

दोळ्यान सांगलें,
"माका सगट दिकुक जाता".
देवान सांगलें,
"ना हांवें दाकोवुचे मात्र
दिकताय तुमी".

कानान सांगलें,
"माका सगट आयकूंक जाता"
देवान सांगलें,
"ना, हांवें आयकोवंचें
मात्र आयकतात तुमी".

हातान सांगलें,
"माका सगट करूंक जाता"
देवान सांगलें,
"ना, हांवें करोवंचें
मात्र करूंक जाता"

मनुश्यान सांगलें,
"जाल्यार हांव कित्याक?
हांव ना जाल्यार तूं कित्याक"?

देव उलयनातिल्लें बसलो.
मनुश्यालें मुखार,
कुरड़ो केप्पो आनी मुंगो जावन बसलो.

21. पावस आशाढांत

पावस आशाढांत
पोणु सरचो
पावस पावल घासून
भितर येता
राती निदेता
निदे कूडांत पडताना
बिल्लीवरी लागी पडता, आनी
आंगाची हुनसाणी भोगता.
पावस नाका म्होण सांगताना
पावस उपाशी पडून रडता
पावस आशाढांत
पोणु सरता
दोळे भरून रडता
नाका, नाकागो मेगेली आंगाची
हुनसाणीन शेळवोत
ना करिगो.
पावस आशाढांत
तूं माकाच जाय म्होण सांगताना
तूं माका जीव म्होण सांगताना

तूं जीवनाची, जीविताची,
जीणेची, जीवाची
(...कितें तें माकाच कळनागो)
पावस आशाढांत
माका जीव दिता
जीवित दिता
तूं माका जीव गो
जीवनाचें
जीविताचें....
(...माकाय कांय कळनागो)

22. हांव शूद्रु

हांव शूद्रु,
भूंय फुटोवन उबि जल्लोलो,
रेवांकून किरलून येयलोलो,
हांव शूद्रु.
चिकलांतु बुडून नंवचो,
मातियेचो घाणि असिल्लो,
हांव शुद्रु.

पावस पडता, म्हजाच खातिरि,
वोत पांवता, म्हजाच खातिरि,
हांव शूद्रु.
दोव येता म्हजाच खातिरि,
गीम येता म्हजाच खातिरि
हांव शूद्रु.

जाड सगड फुलेयतात,
रूख सगड फळेयतात,
मेगेले हुमेन आनी
हूमेचे मिठसाणिन,
हांव शूद्रु.

सूर्याची हुनसाणि उजवाडान,
माका सल्प सरि बीं ना;
सहस्त्र दोळ्यान चोयलारिय,
हांव करपूचि ना;
सुर्याचे मुकारि निटूच राबून
तागेले निडळाक हांव आपडतोलो
तावळि, तो बावन हुनसाणि सारनू
मेगेलेच मुकारि सांज जातोलो,
हांव शूद्रु.

मिजे गींत आयकून,
चंद्रु वाडतोलो,
वाडून वाडून तो शेळवताचो सूर्य जातोलो,
मागिरि तो कुरवंतोलो,
ताका हांव मारून मारून ना करतोलो
काळका रातींत घालतोलो,
हांव शूद्रु.

म्हजो देवूय शूद्रु
गोडसाणींचें खाण नाकाच ताका
तो खाता हांवे खावचेंच
तो

पेज पिता
सुकें शीत जेवता
मांस खाता
नुस्तें भाजू खाता
म्हजो देव शूद्र
हांव शूद्र

शूद्र म्हजी ही भूंय, मळब,
रूक-रूकावळ
भीमावरी वाडून येतलो
आनी सगटांक
आपडून तांकांय शूद्र करतलो
हांव शूद्र
हांव वारें जावन पर्वतार पांवतलो
उदाक जावन समुद्रांत पांवतलो
आनी अभिमानान सांगतलो :

हांव शूद्र
हांव मात्र न्हंय
आमी सगटय शूद्र
म्हजें भारत शूद्र
हांव शूद्र

केन्ना केन्ना जगत्याक ग्लानी पांवता
तावळ तावळ हांव जगांत
उरून जगाक राखतां
हांव शूद्र

मिजे बापा शूद्र,
बापालो बापाय शूद्र,
आजो शूद्र, आज्जालो आजोय शूद्र,
वोतांतु शिंपून, तांगेलो जीव दिवून,

वाडोन हाळेले,
भात, गोंव, नार्ल, आंबो, केळें
सूर्ण, पपाय, पणस सग
पाडोवन काडून,
आवयबापूय तांगेलें पालकांकेय
उपाशि घालून,
तेन्ना
धावन धावन पोट भरून
ढेंको मारलेलीं
कोणकोण आसात, उळदियाय

23. सत्य

सूवे दोळ्यांतल्यान ऊंट गेलें
सूवे दोळ्यांतल्यान देवूय गेलो
देवूय
देवालयय
आदी बापूस आवस आनी
तांगेले
पूत पुतणियेय
मागीर हांवय
जीवनाचे दोळ्यांतल्यान
आलतां - पेलतांत गेलीं

जाल्यार
ऊंट बापूस आवस पूत पुतणिये
आनी हांव
कोण पावले ना
देव पावलो
तें तागेले राज्य देकून न्हंय
थांगा पावचाक
तो योग्य दिकून
हें सत्य, सत्यच

24. एकच घोसांतलीं फुलां

एक फूल तूं
आनी एक फूल हांव
एकच घोसांतलीं फुलां आमी
आमी एकडेच उरलीं
तूं नांचली
तावळ हांवय नांचलो
सूर्य तें चोवन राबलो
तागेल्या हुनसाणीन
आमी हुमेलीं
चंद्रु तें चोवन राबलो
तागेल्या शेळोवान
आमी कडकडेले
वारें तें आयलें
तूं भीवन राबली
तुका लागी काडून हांवय राबलो
आमी तशीच राबलीं
थोडीं फुलां पडून गेलीं
तेन्ना आमी
आमी मात्र

पोटोन धरून राबिल्लीं

फूल जावन राबिल्लीं

मागीर फळ जावन राबिल्लीं

सूर्याली हुनसाण घेवन

चंद्रालें शेळवोत घेवन उरलीं

बीं जावन

किरलून झाड जावन

वाडून रूक जावन

तशी तशी उरलीं

25. सान फूल

रानांतले रुक-रुकावळिचे
काळे सावळेंत,
सान खोम्पियेरी,
एक फूल निपून राबलां.
गंध ना, रंग ना,
अमासेंतल्या काळकांत,
चांदिण्याचो एक कुडक्यावरी,
एक फूल.

ल्हवूच, ल्हवूच,
फुलून आयलेलें,
चंदाय नातिल्लें,
एक सान फूल.

ऊणे, ऊणे,
धांपून दवरल्यारीय दांत
भायर दिकुचो हांसा वरि एक फूल.

"कित्या तू निपून राबलां?
लजेन वे?"
....विचारलें.

"लजेन न्हय, भयान"
तिणे सांगलें.
"रानांत कितें भिवुक तुका?
....परतून विचारलें.
"राकुक कोण ना जाल्यार,
निपून सरचें फुडेच कोणाले
दद्दक्ष्टींत पळ्ळ्यार थांगाच सरतलें जीवित."

इतलेंच सांगच्या फुडेच
भयान घुपसून आयलो
आनी ताळ्यार शिरकलो
तिगेलो जीव.

तें फूल काळे सावळेंत निपून राबलें
तिगेले जीवित सरचे मेरेन.

26. वाट

वाट दाखयतां,
वच, मुखार वच,
मागलान चोयनातिल्लें वच.
आनी, सोदून काड,
जीवित तुगेले
वागते मल्लटिन्त,
उगते पळ्ळ्यां,
वच, मुखार वच,
आनी, सोदून काड.

दीस तुका जायते आसात,
दिसान दीस जन्म तुका मेळत आसा,
वच, आनी परतून परतून सोदून काड,
जीवित तुका मोगाचें म्होण लेकून काड.

उपाशी पडून, उशीणें घेवून, तारतुन,
काड तुगेलो जन्मु.

आनी, आवसुक भविश्य जा,
बापसूक आशा जा,
बायलेक पुराय जा,
चेरडुबाळांक सावळी जा.

आनी, सोदून जीवित सरताना
तूं देवाक उळदून सांग
"काम मेळ्ळें ना,
जोडिल्लें ना, जाल्लें ना,
खेल्लें ना, पिल्ले ना,
उशीणें घेतिल्लो जन्म रिणान भरला,
न्हंय आतां समुद्रांत पावता.
वारें रानांत पावता,
फुलून नांचचीं झाडां करपून वतात,
जीव ताळ्यांत शिरकून आसा."

देवा, हांवें कितें करचें? हांवें कितें करचें?
गीमा वोतांत पावसाचें सपन कित्याक?
रितें पोटांत फळाराचें चित्रण कित्याक?

27. ताली

सुण्टून वच्ची दोरी
ताजेर तुगेले गोमटेरी ताली
ताळतारी रचिल्ली
तुगेली काणी
तें पळे तुगेली जीविताची सूची
सगटय लेकून काडची तूं
तुकाच खोंपुची सूव
सूव धुवे तुका ताली
सूव मांये तुका ताली
जन्मपापान
तूंच बायल मनीश जावनु जन्मता
जन्मपापान तूंच बायलय
ताली गोमटेर गुळको
जावन तें नेणतानाच
जन्म काडताच आसात
ताली
तांबडी दोरीर
तूं घे
(नाका, हें कांय हांवें सांगूक पाणा,
तुका तुगेलें जीवित काडूक आसाच
स्वतंत्रताय)

28. तुजे दोळे आनी वर्ण

कायळ्याचे दोळे

तुका नाका

मेगेले मोगाची सुंदरी

तुका मासळीचे दोळेच चंद

कायळ्याचो काळो वर्ण

तुका नाका

मेगेले मोगाची सुंदरी

तुका चांदीण्याचो वर्णूच चंद

29. दासु

दासु तू
हांव साबाव देव
धनी तूं
हांव साबाव आश्रीत
दुडु आसा तुज्या हातांत
हांव साबाव भीकमागरी
दासु तूं
हांव साबाव देव
तूं दिता
हांव घेता
माका तूं जाय
तूं माका राखरे दासा

30. खबर तरातरांचीं

आज जायतीं जन भायर पडली
मृत्यु धावनु भोवनु खावनु आसा
वायट सगट आयकूंक आसा.

फोनाचें बेल वाजलें
"हेलो"
"हांव शिवानन्द शेणै"
"भाग्य"
"कितें जालें?"
"तुमी जीवंत आसात म्होणु"
"आसा"
फोन कट जालो

फोनाचें बेल परतून वाजलें
काणी सरीच
परतून परतून वाजता आसा
भाग्य हें जीवित
भोंवन भोंवन येवचे कडे
भायर पडता आसात
गूळो लागुयात
बोम्ब फुटूयात
प्लेन क्रॅश जावयात

ट्रेन डिरेल जावयात
रावचें घर फुटूयात
भलायकी नासून मरयात
बस - कार आडळून मरयात
मरणाक तशी कांयच ना

फोनाचें बेल वाजलें
"तुमी कशी आसात"?
"कितें?"
"जीवंत आसात?"
"व्हय - आसा"
"भाग्य"
"टीवींत खबर आसा"
"कितें?"
"तुमी भायर पडले म्होण"
"हांव?"
"व्हय-तुमीच"
"कशी?"
"कार फुटून"
"ना सायबा"
"हांव जीवंत आसा"

फोन राबलो
फोन मेलें

टीवींत आनी एक खबर आयली
एक कवी कवितागोश्टींत
भाग घेवनु
कविता वाचून
वाचतां वाचतां
मरून वचचें दृश्य
लाइव दाखयता आसा
चोवन चोवन
माकाय मात्याक
जडसाण पावचाक लागलें.

मृत्यूक होडपण ना
सान सान जावन येवन
दिवडान बेब्याक धरचे तरेन
एकेक जावन
चाबप आनी गिळप.

जीवितांत बन्धुबान्धवांक
शेंडची ही प्रतिसंधी कित्याक
झुजांत हारवलेल्यांक
जिवशी मारचें हें
पाप कित्याक?
सदाम कित्याक झुजाक गेलो
गदाफी कित्याक झुजाक गेलो

मृत्यूक एकेक वाट
एकेकल्याले खातीर
मळबाक अपडलेले टवरा वरी
फुटून फातर आनी
फूटी करूंक
मृत्यूक वेळ कांयच नाका
एकच मात्रेन ना करूंक
आनी एकच मात्रेन भायर घालूंक
मृत्यु दाष्टीक आसा
एक, दोन, तीन....
फुटून सरलें

सपन आशिल्लें
भिवूंक कांय ना
सगटय मेळचें
सपनांत सगटय आसा
सगटय पसंदाचें

आतां हांव आसा
सुपर मार्केटांत
जांवका जालेलें सगटय
हांगा मेळूंक आसा
आवसु विना सगटय आसा

दुडु नाकाच, उशीणें दितात
साबाव एक डेबिट कार्ड दी
रीण, फूट रीण
घेवचें आनी भोगचें
पसंद जावन भोगूचें

सपनांत आसा
आतां सपन फुटल्यार
सरलें
जीवितांत घेतिल्लें रीण
धांवडेर धरून
मृत्यून आमकां जिवशी मारचें

हांगा एक खबर आसा
"डॅम फुटून मेले" खंय
शंबर वर्स फूडें बांदिल्लें डॅम
फातरान आनी चिकालन बांदिल्लें डॅम
आतां फुटूंक वता...
खबर संगून आसात
तीस लक्ष जन
होळून वतात खंय
तांतु एकलो हांव
मेगेली बायल,
दोग जन पूत,

तांगेल्यो बायलो,
तांचेर मेगेल्यो नातीयो,
मेगेलें घर
मेगेलो गांव
गांवांतलें वातावरण
आनी आसा मेगेलो देव

डॅम फुटून
होळून होळून
होळून पांवचे कडे
समुद्राक कितें नांव?
मृत्युसागर!

दोळे भरून रड नाका
दोळ्यावेली ओलसाणी
पुसून काड नाका
चाबून बसाय
मुल्लपेरियार डॅम
फुटून फुटून...

आतां सपन सरलें
मोगरें फुलच्या रानांत थाकून
एक न्हंय
परत होळून आसा....

31. अपुरबाय

मेगेल्या गांवांत, एक सूराची आंगडी आशिल्ली
आंगडी म्होण कांय ना
माडाची एक खोंपी
माडावेलो सूरू खोंपींत विकप

खोंपींत एक बायल आशिल्ली
"पारोती"
काळीच आशिल्ली
तिगेले दांत धवेच आशिल्ले

येवंचे सगटांक सूरु दिताली आनी
लागी खावूंक
रांदय करून वाडताली

माडाचो सूरू
भाजिल्लें सुंगट आनी पारोतीली अपुरबाय
पसंद आशिल्ले

मेगेलो सांगाती अंटोनी
थांगा सदां वता आशिल्लो
सूरू पिवन आशिल्लो

सुंगट खावन आशिल्लो
अपुरबाय घेवन आशिल्लो

अंटोनी सूरू पिवन माथें घूंवन
थांगाच पडून निदेतालो
पारोती सत्यानच तागेली आवस जाताली
ताका राखून काडताली

आतां तो जागो ना
सूरा आंगडी ना
रस्तो रूंद करतना तें पिसडून ना जालें

आतां सूरू ना
भाजिल्लें सुंगट ना
पारोती ना
काळे तोंडावेलो धवो हांस ना
अंटोनी आतां ना
तागेलो ताळो आसा
पारोती ना
काळे तोंडावेलो धवो हांस ना

पारोतीन दाखयिल्ली अपुरबाय
हुनहुनीत आतांय आसा

32. एक कुटको सूर्याचो

काळे मळबारि सुर्याचो एक
कुटको आसा
केदाणा तो
उदेलो म्होण कळना
खंय वचूं ना
कांय करुंक ना
आवसु तांगेली
जाणून कि नेणून
चेरडालें
रडणें
आयकूक
कान दिवन बसल्या
आवसु, बसूनच
मोरून
गेली
पूत सूर्य उदेवन
आतांय आसा
तो रडुन आसा

33. सिंदरा भोगोंती

सिंदरा भोगोंती
हळदुवीच
चांदिण्याची राती ती निदेनातिल्ली भोंवची

सगट जनांकय राखूची, ती
वाट्टे देगेर उपाशी पडची

निसरुन वता जल्म
सरून वता वर्णाचें सपन

एकेककलींय येतात
एकेक मागून वतात
मागिल्लें मेळचे खातीर
मीट आनी हळदि हातांत भरून दितात

कोणाक जाय भीक
कोणाक जाय निवेदु

सिंदरा भोगोंती
हळदुवीच
चांदिण्याची राती ती निदेनातिल्ली भोंवची

पांगरूक एक कांबळ दी
न्हेसूक एक कापड दी
निडळार एक तांबडो तीळो दी

34. सत्कारु

खोल्लो -
घासिल्लो म्होण दिसना...
चायेक गोडसाण ना...
गोडसाण जांवका म्होणूय ना;
चाय पींवका म्होणूय ना...
नाका, नाका, नाका म्होण सांगूक
मन पावना...

मुखार चाय;
मेजार गोडसाणी खाण
नाका, नाका, नाका म्होण सांगूचें मन
खावपाक तोंडालागी काळ्ळेलें
कुडक्याक कुशिल्ली घाणी
दोळे धांपून गिळ्ळेले निमिशांत
ओंकूक अन्तः प्रेरणा

हात धुवपाक दिल्लेलें
तांबियांतलें उदकाक
तांब्याची कळंबटाणी
भायर देवन चमकूचे वाटेर
शेणी सुकोवची घाणी

बापान, आवसून, भयणीन
निमगीलें -
"कशी रे? कशी आसा?"
"नाका माका ती सोयरीक"
म्होण सांगुचें फुडे मन निमगीता -
तुका नाका ती चली की
तिणे दिलोलो सत्कारु?

35. अहल्या

अहल्या
फातर जावन
न्हंयचे देगेर
पडल्या.
अहल्या
न्हंयचे देगेर पडल्या.
येता श्रीराम आनी
आपडतना पांयांनी
फातर
कापड परततरी
स्त्री जावन
उडता उबता.
अहल्या उडता उबता.
अहल्या
न्हंयचे देगेर
स्त्री जावन राबता.
ही अहल्या
फातर जावन
जन्म वायट करता.

स्वता इष्टान न्हय.

अहल्या फातर जाता

देवाले पापान

बामणाले शापान.

अहल्या

देवा खातीर

बामणा खातीर

फातर जाता.

फातर जावन

जन्म सगट वायट करता.

अहल्या परतून स्त्री जाता.

जाल्यार हांव सांगतां

स्त्री जन्म अशी ना करुंक न्हय.

फातर जावन न्हय

परतून जन्म घेवन न्हय

स्त्री जन्म

दिवो सरी उजवाड दिवूंक

स्त्री जन्म

तूप सरी लासून सरूंक

स्त्री जन्म

चांगपणाचें

चांदिणें जावूंक
आतां आतां
एकेक घरांत
अहल्या
फातर जावन
आसा कित्या?
स्वता हितान (वे)?

36. नक्षत्र

मळबारि

एक

नक्षत्र

मेगेले नावान

लकून

आसात

सगट मनुष्य

नक्षत्र

जाले

हांव, हांव

मात्र

नक्षत्र

जालोना

37. नीळ दोळ्यांचि चेलियेकडेन

नीळ दोळ्यांचि चेलिये,
तूं लागी पावतली गो,
लागी येवन,
म्हजे बोडाक धरतली गो.
जाल्यार हांव तुकाच
लजा करता गो
नीळ दोळ्यांचि चेलिये
हांव तुका व्हारडीक
करता गो.
अशी सांगून तुका फटोवंक
जायते युवक आसात गो
जाल्यार हांव तांतु एकलो
न्हय गो.
तूं म्हजे लागी पावल्यार
तूं म्हगेली बायल जाल्यार
राखण करतलो गो हांव
अशी सांगून तुका फटोवंक
जायते युवक गो
हांव तांतु एकलो न्हय गो

माका तूं लागी आसा
जाल्यार जीवित गोड गो
अशी हांव लेकल्यार
तूजेकडे सांगल्यार
आतां आतां जीवित
ल्हान न्हय मूगो.

काळखाची रात
उपाशी दीसु
क्षामाचो मासु
तूं म्हगेले बोडारि धरता तेन्ना
तुका म्हजे
वोताचे सावळी गो.

हांव रुख निपट कालि गो
नीळ दोळ्यांचे चलिये
हांव
ताटर
जीवित गो
जाल्यार तूं यो
हांव उपाशी पडलां गो आनी
मळबांतलें

नक्षत्रं
मेजिलां गो.
नीळ दोळ्यांचि देवी
तुका हांव
केन्ना
पूजितां गो
फूलान गुंतिल्ली
माळाच तूकां केन्नाय
घालतलों गो
तूं म्हाका देवीच गो

38. उपाशी सूर्य

सकाणी सूर्य घराच्या दारवट्यार पावलो
हांवें सांगलें : "मागीर यो"

तो गेलो ना, थांगाच राबलो
सांज पर्यंत
आयंडो सरी गीळनातिल्लें
दोळे सरी धांपू नातिल्लें
उपाशी, फूट उपाशी

39. बायल

तुका दिकिल्ले पर्यंत तं
माका मिगेली वाट सोणु मेळ्ळेली
तुगेले गोवंटेरि ताली मांदिल्ले पर्यंत तं
मिगेले जन्माक मोल मेळ्ळेलें
तुगेले दावे पावलाचे पोन्दाक थाकून तं
चांगपणाचें घर स्वंत जालेलें
तुगेले वदनारि फुल्लूचे हासां थाकून तं
हांवें मिगेलो वसंत वेंचून काळ्ळेलें
तुगेले स्वार्थारि थाकून तं
हांव मिगेले पावसांत तिम्मेलो
तुगेले मोगाचे रागारि थाकून तं
हांव वोताचे हुनसाणीरि पळ्ळोलो
दिकिल्लें सग सत्यान केलेली तं तूं
तुजान तं हांव मिगेले
बाल्य-कौमारांचें व्यर्थपण जाण जालोलो
यौवनाचें सानपणय माका दिलेली तं तूं
जाल्यारीय मिगेलो दोळो कित्याक
भरूनूच आसा
तुगेलें तोंड कित्याक

तांबडें आसा
पोणु वता आमगेलो जन्म
ना जाता आमगेले सौख्य
मात्र न्हय
आमगेले जन्माचे जोडभूतकाल तं
पोणु मेळ्ळेले फातर सरी
पेल्यां घालूक पाणा जीवित
राकून दवरलेलें देवबिंब सरी
पुजूकय आशिल्लें न्हय जीवित
हें जीवित
जिवंत राबूक आशिल्लें तं
मिटसाणीन कातरलेले स्वप्नाकडे
लावनु दुकूक सुकूनु काडका जालेले तं
घायु पळ्ळेलें जीवित
हें नाटक खेळूक आशिल्लें
हें जेवण जेवंचाक आशिल्लें
अशी - आळतापेळतांतु मनांकरूक जाय.
तूं मिगेले जन्म साफल्य जा
हांव तुगेलेंय -
तूं मिगेले वाटय दारवोटोय कूडय जा

हांव तुगेलेंय -
तूं माका राक
हांव तुकाय -
आमकां
आमगेले जीवित
सुखान दुःखान
गोडसाणीन कोडवाणीन
आमसाणीन मिटसाणीन
तशी तशी
सरचे पर्यंत
चेलिये,
तूं मिगेली बायल जा -

40. एक चेली

एक चेली वाटेर नागडीच राबल्या
समस्त लोकांतले दादल्यांनू
तुमी कितें करतले?
दोळे धांपतले?
एक दोळो धांपून आनी एक दोळो
विस्कळावन
तिगेल्या नागडेपण पळयतले?
दोळे दोनीय विस्कळावन तिगेल्या नागडेपण
जात्रा करून भोंवतले?

हांवें तिजे कडे विचारलें,
"तूं कित्याक नागडी राबल्या?"
तिणे अशी सांगलें :
"माका निपोवंचाक कांय ना देकून
सगट तांणी पिसडून काळ्ळें
पुसून तांणी भोगलें
आनी माका राखून दवरपाक कांयच ना
शिष्ट जल्म उश्टें आसा
कितें करतात तुमी?"

हांव सूर्य
सोंपून काळकान तुका पांगरून दितां
हांव सूर्य
उदेवन तुजें नागडेपण भोगूचे दोळे सगट
कोंकून काडून कुरडे करून
नित्य काळकांत घालतां
तावळ समस्त लोकांतले दादल्यांलें
तोंडार आंबडून
तिणे अशी विचारचें :
"फू... तुमी राखतले माका?
ना, तुमच्यान तें जावची ना
हांवच राखतली माका"

एक चेली वाटेर नागडीच राबल्या
समस्त लोकांतले दादल्यांनू
तुमी कितें करतले?
दोळे धांपतले?
एक दोळो धांपून आनी एक दोळो
विस्कळावन
तिगेल्या नागडेपण पळयतले?
दोळे दोनीय विस्कळावन तिगेल्या नागडेपण
जात्रा करून भोंवतले?

41. आयची सांज

आयची सांज बोडकी सांज
बोडकी बायलेवरी
आयची सांज आवसू सांज
आवसूवरी सांज
केंस ना
तीळो ना
ताली ना
काजळ ना
आयची सांज बोडकी आवसूवरी सांज

केंस खरडून काळ्ळो
दोळे भरून रडतना काजळ होळन गेलें
आयची सांज बोडकी आवसूवरी सांज

आयची सांज उष्टी सांज
जीवन सगट घोवाक दीवन
सपन सगट पूत नातरांक दीवन
जोडिल्लें सगट कुटुंबाक दीवन
आयची सांज बोडकी आवसूवरी उष्टी सांज

ताटर वाट्यांत एक कण सरी बाकी नातिल्ली
पेज पीवन ताळो तिंबोंवचाक आशा करची
आयची सांज बोडकी आवसूवरी सांज
फूल एकेक पडून वचून
वसंताचो अर्थ विसरून वचून
पळाचो घोंस सपनांतूच उरून
रितें रुकाची सांज
आयची सांज बोडकी आवसूवरी रिती सांज
उजवाडांतलें घर
काळकांत बुडून ना जाता
कितें करूंक? तरी कोणाले खातीर करूंक?
जल्म दिलेली आवस
जियेवंक तान दिलोलो बापूस
मोगान राखिल्लो बाम्मूण
सपन सरी फुलून वाडलेले पूत
ल्हान ल्हान जिवितांत
कोडुवाण ना केलोलो देव

आतां सोंपता सांज
आयची सांज बोडकी आवसूवरी सांज
बोडकी सांज

42. मृग जावंक पाणा

देव जावो
दिसले तराचो जावो
फूल जावो
फुलां झाड जावो
कीडी जावो
दशावतारंतलो कोणय जावो

देवा लेकुन आमी मृग जावंक पाणाच

देव जावो
देवी जावो
देवकुलाचे कोणय जावो
देवा लेकुन आमी मृग जावंक पाणाच

43. एक चेडू फूल विकताली

नवदुर्गा देवस्थानाचे मुखार
एक चेडू फूल विकताली
सानीच चेडू ती
एक की दोन वर्सां प्रायेची
दोळे तिजे वाडकुळेच
गालार लाशें आशिल्ली
फूल विकूक रावतना
फुलां घोंस सरी हांसून रावची
फुडेच ती आशिल्ली
आतांय ती आसा
एक चेडू वता आनी एकली येता
वाडून ती लग्नार पांवता
तिका चेली जाता

नांव तिणे सांगलेना
"फूल घे..."
नाका म्होण सांगलेना
परत नांव विचारलें
ती माका सोडून दुसर्याकडे गेली
दिसाच फूल विकून

प्राय सोडून वता
मेळच्या दुडवान ती
जीवित काडता
नवदुर्गा देवीच्या दोळ्यां मुखार
मेळच्या दुडवान ती
जीवित काडता

देवीकडे कितें मागता आसतली?
आसतली - उपाशी पडूंक नातिल्लो
एक जल्म...
नवदुर्गा देवस्थानाचे मुखार
एक चेडू फूल विकताली
सानीच चेडू ती
एक की दोन वर्सां प्रायेची
दोळे तिजे वाडकुळेच
गालार लाशें आशिल्ली
फूल विकूंक रावतना
फुलां घोंस सरी हांसून रावची

44. वोत आनी पावस

वोत आशिल्लें
मात्तें घूवन रुखा सावळेंत बसून शेळोवन
परत वोतांत...
पावस आशिल्लो
तिम्बून आंग पुसून
परत पावसांत...
वोत जावो पावस जावो
सातली साडी नातिल्लें जीवित
तिम्बल्यारीय
मातें घुंवल्यारीय
भुखेक काम करून
जोडका जालेलें जीवित
कष्टय नष्टय ह्या जीविताक
देव साक्षी

45. विंगड विंगड सपन

एक गाय, एक उपाशी गाय
तण खावन भोंवता म्होण सपन पळयता
खाता खाता तरी
पोट भरता तरी
देह वाडून हर्दे निपून वता
एक गाय उपाशी गाय सपन पळयता
सपन अनुभव करता
तण भरलेल्या गजनींत पोट भरून भोंवता
ती खुशीन दीस काडता

त्या वेळा एक मुंबराक (जळाराक)
सपन पळ्ळें
तण खावन देह वाडलेल्या गायचें
दूद भरलेल्या थानां थाकून (मोम्यां थाकून)
हुनहुनच रगत पिता म्होण एक सपन
जळाराची तान सरता
ती उन्मत्त जाता
गींत म्होण नांचून उबता म्होण एक सपन

ती गाय मेगेली बायल जाता

तिगेले सपना वरी हांव घोव जाता
म्हजो जल्म तिजेर सरून वता
पिसडून गेलेले सपन सरी
हाडाचें पांजीरें जाता
आट्टिल्ली तळय जाता

गायेक तण, मुंबराक रगत
दादल्यांक बायल
तरी बायलांक सपनाचें किरण ना?
ना माका केन्नाच
बायलांक सपन आसा?
कित्याक? कशी?
सपन तरातराचें - सगटांकय

46. दळितलक्ष्मी

तूं नांवान लक्ष्मी
तूं कुरूपी
तूं बुरसी
तूं घाणीची
तूं सगट नष्टाची

निडळार ना तीळो
कानार ना वेडी
नांकार ना फुल्ली
तूं सगट कष्टाची

मात्यार ना मांगल्याचो बोरो
ना व्हंकलपण तुका
तूं दळितलक्ष्मी
गांवची सर्वलक्ष्मी
तुज्यान भरता ऐश्वर्य
तुका भोगूंक पावना
जाल्यार

भरून आसा खजाने
नित्य दळित तूं, जाल्यार

सत्य, तूं लक्ष्मी
जल्मजल्माची भाग्यलक्ष्मी

तूं दळितलक्ष्मी
तूं माका भांगराची
तूं उपाशी पडची
तूं माका पोट भरून खाण दिवची
तूं काळी
तूं माका उजवाडाची
तूं कोडुवाणी
तूं माका गोडसाणीची

तूं आमकां दळितलक्ष्मी
तूं आमची भाग्यलक्षमी,
तूं आमची अष्टलक्ष्मी

47. धर्मपत्नी

एक स्त्री माकाच चोवन हांसली
परतून हांवय हांसलो
ती म्हजी कोण?

आंगणांतल्या फुलां झाडार
ती एक फूल

मागीरिय ती स्त्री माकाच चोवन हांसली
कानार पडच्या संगीताचें अपरूप एक कीर्तन
ती स्त्री माकाच चोवन हांसली

ती म्हजी कोण?
थाली जेवणांतली गोडसाणीची रांदय
ती स्त्री माकाच चोवन हांसली
आतां मेगेलो हांस सोंपलो
ती म्हजी बायल
कोडु जीवितांत ती म्हजी धर्मपत्नी
माका मेळचो वांटो काडची
सुख दुःख कष्ट नष्ट अर्द भोगची

48. जीवु

ह्या न्हयंत मासळी ना
सगटय धरून काळ्ळें
ह्या तळ्यांत उदाक ना
सगटय पींवन सरलें
ह्या वार्यांत प्राणवायु ना
सगटय श्वासेवन काळ्ळें
ह्या प्रकृतींत जाय जालेलें कांयच ना
सगटय भोगून सरलें

रितें प्रकृतींत
हांव ना
तूं ना
आमकां फाल्ले सुकल्लें पाल्ले
कर्पल्लो इंगाळो सूर्य
काळकाचो काळो चन्द्र

तरी प्रज्ञेंत एक जीवु जिवंत आसा
चांग जीवु

49. विष्णुपद

देवान दिग्विजयाक पावच्या केरींत
माका एक घर दी
लावंक एक दिवली दी
घालूंक तेल दी
जळौंचाक वात दी
उजवे कडे लक्ष्मी राबूंक बायल दी
तिजो विष्णु जावन तूंच यो

इश्टा तू मेगेलो घरकार जा
आनी दुःख भरित
नष्ट भरित
सदां उसरमिटीचें जीवनाक
अनंताचो आशिर्वाद दी
हांव सदां हरिश्चंदु म्होण लेकून
मोश्णा घाटार
शिष्ट जल्म भोगून काडीन

देवान दिग्विजयाक पांवचे केरींत
माका एक घर दी
लावंक एक दिवली दी
घालूंक तेल दी
जळौंचाक वात दी
उजवे कडे लक्ष्मी राबूंक बायल दी
तिजो विष्णु जावन तूंच यो

50. कल्याणी

ताळ्यार
गींत फुलून येता तर
ओंठार पावन सुकून वता
वोत उजाचें
वाटेर सावळेक तण सरी ना

कल्याणी
तिका आनीकय व्हारडीक जाली ना
तिगेले निडळ रितें
संतोशाचें एक किरण सरी
तोंडार ना
मेगेले मन भरून आसीले गींत
उबून वतात
रडणें जावन पावस पडता
नांव कल्याणी

दादले सगटय तिगेल्या सपनांत आसात
घराकडे आवस बापूस
भाव भयणी सगटय
तिगेल्या मनांत आसात
ताटर वाट्यांत वाळ्ळेले

पेज सगट
व्होळून वता सरी
तिगेले सपन
सपनांत आसा
सौभाग्याचें जीवित

तिका पोट भरून भूक आसा
रानाक उजो लागच्या वरी
भूक तरासून
ना, तिका जायना
तिगेलो उणाव निपोवन दवरूक
तिका जायना
वस्त्र
एकेक जावन
निसरून काडून
दूर थाकून
दादल्यांल्या मुखार
एक दिव्या वरी लावन
जळून सरची
मेणावाती ती
सरून सरून संतु जावची
जल्माची ती

कल्याणी
निपोवन दवरूक कांय नातिल्लो जल्म
तिगेलो अपुरबायेचो जल्म
फूट नागडेंच आसा
अशी म्हाका तिजे पसावत
जायतें बरोवंक जायना
ह्या कवितेक
आनी शब्द ना
जीवित सरून ना जाल्यारीय
कविता सरता
आनी देवाकडे मागतां अशी :
"देवा तूं
कल्याणीक सपन जायतें दी
तिगेल्या भुकेक शमनय दी
काळकांत उजवाड दी"

आतां दीवो सगटय संतु जाता
काळकांत मेणावाती जळता
जळून जळून कल्याणीलें जीवित
ती भोगून काडता

51. सूर्या तुगेले खातिर

सूर्या तूं खंय निपलो?
हांव तुका सोदीता
सूर्या तूं खंय ना जाता?
हांव तुकाच चोवन भोंवता

जीवित अर्दार पावलें
काणी सरली
भुर्गीं
बायल तांणी
बाकी जालीं
ताट्टर सपन
पळ्ळेलीं फुलां आनी
पिकलें पानां
रुका घेंद्यार
शिरकलेलें मळब

काणी सरली
सेळूय सरलो
धोलु चोय गेलो
धोलु वाजूचोय गेलो

चोवन चोवन राबतलें
संतु जालें
दिवलेंत वाती
संतु जाली
काळो धुंवर उबता
जीवन सरलें
काणी सरली
दोळ्यांत
उजवाड संतु जालो
तावळीय
जीवित बाकी पळ्ळें

52. धूव आनी हांव देव समेत

निसरून वच्चे सपनांत
एक धूव आसा
-दिसल्याले मागलान
लग्नान गेलेले
सरून नातिल्लें दुख्ख आसा
खांद्यार घालेली वेष्टी
तिका विचारता
तिम्बून भरचे
दोळे पुसूंक सदां आसा

कांय उणाव केलेले ना
कांय नाका म्होण सांगलेले ना
तिगेली वाट तिणेच सोदून काडली
- व्हय, सत्य, तें तशीच जालेलें
कोणाकडे सांगूक?
आयकूंक देव सरी पावलोना!
देवाक कळना की?
आमी हांगा जायते तराचे,
जायते रीतीचे, जायते जातीचे,

जायते धर्माचे, जायते गांवांचे
व्हय, देवाक कळना आसूका

वैबलांत देवान बेवल घुपसायलेलें
भारतांतले झूज सगटय देवान करयलेले
सत्य हारवूची ना
जनांक सगटांक फरक करून
देव दोळो विस्कळावन चोवनूय कुरडो जाता
कान विस्कळावन आयकूनूय केपो जाता
चोरालो देव सगटांक फटयता
ती तिगेले मनान तिका दिसल्याले मागलान
लग्न करून गेली
मेगेली अपुराबायेची धूव
तिजेर एक सपन रितें जालें
ताटर जालें, ना जालें

53. पी जी कामत माका गुरू

कामत माम
मातियेचो माम
तो रेंवेंत थाकून फुटून आयीलो
वाडून वाडून येता तरी फुलून राबिल्लो
फुलता फुलता तरी फळ जालोलो
फल पिकून गोडसाणीचो आंबो जालोलो
रुचीभरीत पणस जालोलो

कामत मामान वोयलेली रोंपी
आतां मातें बागवून राबून
उडगासान सांगता अशी :
"शंभर शंभर वर्सां फुडे
आमी एकच कोंकणी उलयतालीं
आतां तोवय कोंकणी उलयता
होवय कोंकणी उलयता
आमी कोंकणी उलयतात
जाल्यार तुमी शिंपून वाडलेलीं कोंकणी
आतां जिबेर विंगड जावन पळयतात."

पडून वच्चें नांव न्हय तुगेलें

सोडून वचाक जावची ना
वोंवन आसा भात गजनींत
तुमी कांडून काळ्ळोलो तांदूळ
एकच आंगणांत राबून सांगतात अशी :
"कामत माम तूं
मातियेचो माम
तूवें दिलेली कोंकणी
आमगेल्या जिबेर उरतली
पणस वीवुन बिकंड जावन गांवगांवांत पावतली
किरलून रसाळो पणस जावन वाडतलो"

54. भारतकार

भारत
मिगेली आवसु
ती भुंयेंथाकून किरलून आयलेली
ती भूंय फुटून आयलेली
ती भुंयची हुनसाणी आशिल्ली
तोरटाणि, बुरसाणी, जिवसाणी आशिल्ली
तिगेले चेरडुपणांतुले सपनांतुलें
बावलें हांव
हांडीर दवरुन भोंवता
गीत म्होण दिता
काणी सांगून दिता
हांव तिगेले सपनांत
पूत जावन जन्मतां
भारत
मिगेली आवसु
सांगतां सांगतां हांव वाडून की
ती वाडून की - सपनां सगट
पोणु वताय
सपनांचे वर्ण, बालचापल्य,
सगट ना जाताय
हांव बावलें, तिका नाका जावन,
वाटेर पडता
हांव, पुताकडे तिका अपुरबाय ना जाता

भारत माका आवसु
भारत माका घरकारणी
ती भुंयेथाकून फुलून आयलेली
ती भुंयेंत जीवंत आशिल्ली
ती मिगेली हुनसाणी
जीविताचे चरचर, पडपड, चकचक
सगट जीवंत तारासूची
तिगेले जीवितांत
हांव तिका घोव
ती सकाणी उटावन
न्हावन, चांग वस्त्र न्हेसून
निडळार तीळो लावन
लळित सुभगा जावन
मुकार राबून
चांग उतर उलोवन
माका जागयता
हांव कामाक वतना
देनपारांय खाण जेवण दिवन
ती दारवट्यार
हासून राबता
सांजे परतून येतना

ती
सांजेय फुलचें फूल जावन राबून
माजर सरी आपोणु
सूणे सरी लेवनु
गाय सरी दूद जावनु
कोबू सरी गोडसाणि जावनु
तशी तशी ती माका
घरकारणी जाता
भारत माका घरकारणी
राती निदे कूडांत
मिजेकडे संपूर्ण जाता
मिजेकडे संयुक्त जाता
मिजेकडे संतृप्त जाता
मिगेले चेरडुबाळांक जन्म दिता
भारत माका घरकारणी
भारत माका भयणी
ती हांव सरी
आवसूर थाकून जन्म घेत्तल्ली
आवसूल्या जीविताचें फल
तिका ना कोडवाणी

तिका ना खारसाणी
तिका ना तोरटाणी
ती माका भयणी
ती मिगेले रगताची
ती मिगेले हुनसाणेची
ती मिगेले अपुरबायेची
ती वाडून वाडून येता
ती वाडता तरी
मिगेले मनाक उजो लागता
ती घर भरता तरी
मिगेले मनांतुले उदकाक खतखत येता
तिगेलो गळो
वरण माळे खातीर
दीग दीग जाता तरी
हांव मिगेले भयणी खातीर
भिजूड जातां
सूर्याकय चन्द्राकय
माका भय
पक्षीकय पारव्याकय
माका भय
वारें, वोतय, गिमूय, पावसूय
मिगेले भयणीली नीद सरीय
माका भय

कोण आसा मिगेले भयणीक
एक जीवन दिवंचाक?
कोण आसा तिका
तिगेलो जल्म फारनु व्होरनातीलो?
हांव राकून काळ्ळेले तिगेलें
सर्व फटोवन काणत्तीलो?
कोण आसा तिका घोव जावंचाक?
म्होवाळ घोव जावंचाक?
अशी अशी ती माका
भयणी जावन
मनांत अग्नि जावन
जन्मांत उष्ण जावन
गिळूंक सोणा जावन
ताळ्यार खोंबिल्लो कांटो जावन
जीब कातरचें सत्य जावन
ती मिगेली भयणी
भारत माका भयणी
भारत माका दंदकारणी
ती खंयकी थाकून येता
ती खंयची की भास उलयता
तिका खमटल्ले तेलाची घाणी
तिका बेळशेल्ले खाणाची घाणी

नातिल्ल्याची ओलसाणी
तिका उपाशी पळ्ळेलें सपन
ती माका दंदकारणी
ती येता वता
येवन वचून भितरी
घराकडे बाकी जावंचें काम सग करता,
बाकी जालेलें सग खाता,
बाकी जालेलें सग भोगीता,
बाकी जालेलें सग चीर्यांत बांदून काडता
तिका कालि ना, फाय आसा
रित्तें पोटय, घेवन
उदेवंचो सूर्य आसा
फूट उपाशी पोणु
हाड उबारलेलो दीस आसा
उष्टें घेवन खावन
पोट अर्द भोरचें
भोरनु भोरनु सोरनु वच्चो
जन्म आसा
भोगून भोगून ना जावंचें
जीवित आसा

भोगून भोगून ना जावंचें
जीवित आसा
चोवन चोवन पोणु वच्चें
सपन आसा
दंदकारणी हें कांय नेण
ती दंद करनूच आसा
ती मिगेली दंदकारणी
भारत
भारत माका
शेजारणी
ती स्वर्गार थाकून येता
ती स्वर्गाचें चंगपण जाता
तिका ना घाणी, तिका ना ऊणाव
तिका नाका जावन कांय ना
ती सगट संकल्पाचें पूर्णपण
गोडसाणीचें खाण तिका
गोड गोड वर्तमान तिका
गोड गोड वर्तमान तिका
बुदवंत पूत धुवो तिका
समृद्धीची पूर्णताय तिका
ती शेजारणी

मिगेलें भारत.
हांव तिका चोवन साबाव सपन दिकतां
सपनांत ती माका आवस जाता
भयणी जाता, घरकारणी जाता
सगट सपनांची प्रतिरूपिणी जाता.
भारत
हान्नी कांय न्हय.
पुराणांत
चरित्रांत
ऐतिह्यांत
भारताक एकच रूप.
आतां मिगेले मनांत
भारताक अनेक रूप
एक हातांत मल्लट्टी घेवन
पिंजल्लें वस्त्र न्हेंसून
उंचार आयललें हाडय दाकोवन
फोंडांत गेलेल्या दोळ्यांत
उमासेचो काळूकूय जावन
भीक मागूंक राबिल्ली
ही बायल माका भारत वे?
शंबर दादल्यांले शुक्ळाची घाणीय घेवन

दादल्यान ना केलेलें
बायलपण घेवन
पिसडून पिसडून पिंजून घालेली
ही चेरडुप्राय
आनीकय सोणतिल्ली
युवति माका भारत वे?
न्हेसूंक कांय ना दिकून
न्हेसल्यारीय पांगुरल्यारीय ना जावंचें
कांय ना दिकून
नागडीच भोवंची ही म्हांतारी
मिगेलें भारत वे?
हासून येता ती
मिगेले सपनांतुली
भारत -
सरस्वती, लक्ष्मी, गोदावरी
गंगा, यमुना
तशी सगटय
हासूच्यो देवीयो -
जाल्यार रडच्यो बायलो
रडूनूच आसाय
रडच्या देवियांले

ह्या भारतांत
मिगेलो जन्म
सांगूंक मात्र एक पूत जावन -
सांगूंक मात्र एक भाव जावन -
सांगूंक मात्र एक घरकार जावन -
तशी तशी
सांगूंक मात्र
भारत जावन -

55. इश्टा

इश्टा

तूं रोडूं नाका

तूं बावू नाका

तूं म्हाका सोण वोचूनाका

एक पावटी सरि परतून चोवूका नाका

तूं आसा मोगाची

ऑटॉग्राफ़ारी अशी बरयले तरी

लिफ़्टारी तांणी वोळकिले ना

हाई म्होण सरी उलयले ना

ओलें उगडासांतु, नष्ट जन्मु

परतून तांणी विचारलेले ना

इश्टा

तूं रोडूं नाका

तूं बावू नाका

तूं म्हाका सोण वोचूनाका

एक पावटी सरी परतून चोवूका नाका

तूं आसा मोगाची

जीवित रोडूंक न्हय

पी. एन. शिवानन्द शेणै
(1951-2013)
चित्रकार : श्री. चित्रमित्र

"कवितेच्या मारवांत आपणालो जागो आडावन बशिल्लो एक आत्ममग्न कवी. ताजो म्हणून एक खाशेलो आत्मस्वर आसा. तो स्वर ते तरातरांनी ओळयतात खेळयतात. त्या स्वरांतल्यान कवितेन शब्दरूप घेतलें म्हण्टकीच ते परत नवो सूर लावपाखातीर आत्ममग्न जातात. ते एकाच सुरा भोंवणी घुंवत रावनात. ते नव्या नव्या अनुभूतींचो स्वीकार करीत वतात - आदलेपरस दुसरी वेगळी अशे तरेची अनुभूती. म्हणूनच तर शिवानन्दबाबांची कविता खंयच एक कोंडाळें कशें करून रावना. कविता शब्दरुपांत उतरली म्हण्कीच ते अलिप्त रावन तिका नियाळतात हे खातीर अंतर्मनाक एक वेगळी अशी शिस्त लागता. शिवानन्दबाबां कडेन हो गुण आसा." - **नागेश कर्मली**

"आपल्या 'किरकिर' पुस्तकाद्वारीं कोंकणी कविता शेताक पांय तेंकल्ल्या शिवानन्द शेणैच्यो कविता 'प्रिसम' बरी म्हणता कवी शरतचंद्र शैणै. व्यक्ती जिवितांतले, मनीस समाजांतले, सैंमांतले, आनी पुराणांतले आगळे वेगळे सुक्षीम, रंग रंग्याळीं चित्रां तांतुतल्यान आस्वादकांच्या दोळ्यां सामकार शिंपडोन पडतात." - **मेलवीन रोड्रिगस**

पी जी कामत फ़ौंडेशन
एरणाकुळम - केरळ
pgkamat.foundation@gmail.com

₹ 100/-